आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरो

Date :22/03/2025 7.20 pm

मुखेल खबरो

1 गोंयांत राबीतो करपी बिहार वासियांनी गोंयची संस्कृताय आपणावची अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

2 गोवा शिपयार्ड लिमिटेडचे भारतीय नौदळखतिर निर्मित 'तवस्य ह्या दुसऱ्या झुज बोटीचे आयज संरक्षण राज्यमंत्री संजय सेठ हांच्या हाजिरेंत नीता सेठ हांच्या हस्तुकी अनावरण केले.

3 पेसो तज्ञांकडल्यान नाकेरी बेतुल हांगा गनपावडर सांठोवपाच्या बंकराची तपासणी

4 गोंयचे मोपा आनी दाबोली हे दोनूय विमानतळ चालू उरतले आनी देखून दाबोली विमानतळ बंद जावपाची शक्यताय ना अशें राज्यसभा खासदार सदानंद तानावाडे हांणी आयज पणजी घेतील्या पत्रकार परिषदेत सांगलें.

--------------------

गोंयांत राबीतो करपी बिहार वासियांनी गोंयची संस्कृताय आपणावची, गोंय शात एकचारान रावपी राज्य, ताका लागुन बिहारी मनशांनी गोयांत रावतना खंयच्याच गुन्ह्यांनी घुसपुचे न्ही अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. बिहार राज्याच्या स्थापना दिसाची कार्यावळ आयज पणजे इन्स्टीट्युट मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरात जाली. त्यावेळार मुखेलमंत्रीप्रमोद सावंत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. जे बिहारवासिय गोंयात रावतात तांची गोंय ही कर्मभुमी, तांणी गोंय नितळ आनी पाचवेचार दवरचे अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

ह्या कार्यावळीक केंद्रिय राज्य संरक्षण मंत्री संजय सेठ हाजीर आशिल्ले. तांणी आपल्या उलोवपात गोंयांत राबीतो करपी बिहारवासियांक बिहार स्थापना दिसाची परबी दिली. तशेंच बिहारचे नागरीक हे कर्मयोगी, तशेचं बुध्दीजीवी आसताता अशे म्हणले. बिहार ही भगवान महाविर , अर्थशास्त्रतज्ञ चाणक्य, नालदा तक्षक्षिला विद्यापिठ आसील्ली म्हान बुदवंतांची भुंय, ताका लागुन गोंयातुय बिहारच्या नागरीकांकडल्यान बरे योगदान मेळटले अशे संजय सिंह हांणी म्हळा.

ह्या कार्यावळीक राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे, भाजप प्रदेसाध्यक्ष दामोदर नायक , बिहारी समाजाचे फुडारी प्रवीण चौधरी तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

ह्यावेळार गोयांत बरी कामगिरी केल्या बिहार वासियांचो मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी भौवमान केलो. ह्या कार्यावळीक गोयांत राबीतो करपी बिहार वासियांनी व्हडा संखेन हाजेरी लायिल्ली.

भारत पुराय तरेन आत्मनिर्भर जावपा खातीर यशस्वी रित्या मुखार वचत आसा तें पशांत जाल्यार फुडाराक ५० हजार कोटी रुपया आयात करपाची मोख दवरून आसा म्हणपाची म्हायती केंद्रिय रक्षा राज्यमंत्री संजय सेठ हाणें दिल्या.

गोवा शिपयार्डान भारतीय नौदला खातीर बांदिल्ल्या दुसऱ्या झुजा मळावयल्या बोटीच्या उक्तवण सुवाळ्या वेळार ते उलयताले . रक्षाराज्य मंत्री सेठ हांची घरकान्न नीता सेठ हांचे हस्तुकी तवस्य ह्या झुज बोटीचे आयज जलावतरण जाले . ह्या वेळार उलयताना केंद्रीय मंत्री हाणें म्हळा, की प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीन सुरू केल्ल्या आत्मनिर्भर संकल्पनेक पुराय देशभर बरो तेको मेळटा. गोवा शिपयार्डान फकत आठ म्हयन्यां भितर ही बोट बांदुन तयार करताना देशातल्या उत्पादनाचो वापर करून आत्मनिर्भरतायेचें उदाहरण तयार केला. गोवा शिपयार्डन फुडल्या पाच वर्सा भितर ६० नवे प्रकल्प येतले जातुंन ६५ टक्के गुंतवणूक ही स्वदेशी आसतली म्हणजेच सात हजार कोटी रुपया देशा भितरच उरतले. आयज सगळे भारतीय एकठाय येवन मुखार वतात ते पळेत जाल्यार भारत फुडाराक जागतिक पांवड्यार

तिसरी आर्थिक शक्ती म्हुण मुखार येतली हातुन मातुय दुबाव ना म्हणपाची म्हायती केंद्रीय रक्षाराज्यमंत्री संजय सेठ हाणें दिल्ली.

ह्यावेळार भारतीय नौदलाचे व्हायस एडमिरल एस. जे. सिंग, व्हायस एडमिरल राजाराम स्वामीनाथन, गोवा शिपयार्डाचे चेअरमन ब्रिजेश कुमार उपाध्याय, खासदार सदानंद शेट तानावडे, खासदार कॅप्टन विरियातो फर्नान्डीस, आमदार दाजी साळकार, आमदार संकल्प आमोणकार, नगराध्यक्ष गिरीश बोरकार आनी हेर मानेस्त हाजीर आसले.

नाकेरी बेतुल हांगा गनपावडर सांठोवपी बंकरांत स्फोट जाल्ल्या सुवातेर आयज पेट्रोलियम आनी सुरक्षीतताय संघटनेच्या म्हळ्यारच पेसो ह्या यंत्रणेच्या तज्ञाकडल्यान तपासणी जाली. ह्यावेळार जिल्हा प्रशासनाचे अधिकारी आणि आपत्कालीन विभागाचे अधिकारी हाजीर आशिल्ले. ह्या तपासणेत थळावे आमदार एल्टन डिकॉस्ता हांणीय वांटो घेतिल्ला. हे संबंदीचे तपासणेचो अहवाल अधिकारी बेगीनूच जिल्लो प्रशासना कडेन सादर करतले.

हे विशीं दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी एग्ना क्लिटस हांकां विचारलें तेन्ना पुराय प्रकरणाची चवकशी करपा खातीर पेसोचो मुंबयच्यान पंगड अायला अशें तांणी सांगलें. ह्या पंगडान केल्ल्या चवकशेच्या अहवालाची आमी वाट पळयतात. तो पावतकच फुडलो निर्णय जातलो. पूण सुरक्षेचो उपाय म्हणून वाठारांत लायिल्लो कर्फ्यू चालू दवरला अशें तांणी सांगलें.

बिरेस्तारा रातच्या 10:30 वरांचे सुमाराक ही दुर्घटना जाल्ली. सुमार साडेचवदा टन गनपावडर आशिल्ल्या बंकरांत उजो लागलो आनी मोटो स्फोट जाल्लो. ह्या अपघातांत बंकर पुरायपणान नश्ट जाल्ल्यान स कोटी रुपयांचें लुकसाण जाल्लें. सुदैवान कसलीच मनीसहानी जावंक ना.

घुमचे कटर घुम... ओस्स्य ओस्स्य, वांगडा भारत का बच्चा बच्चा जय श्री राम बोलेगा ह्या जायघोशात आयज पणजे शिगमोत्सव समितीन वतीन आयोजित पणजेतल्या 37 व्या शिगम्याच्या मिरवणुकीची सुरुवात जाली.

शिगमोत्सव मिरवणुकीचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी परंपरागत आनी विधीवत श्रीफळाची पुजा करुन उक्तावण केले. ह्यावेळार पर्यटन  मंत्री रोहन खंवटे, भाजप प्रदेशध्यक्ष दामोदर नायक, पणजी म्हापालिकेचे म्हापौर रोहित मोन्सेरात तशच पणजी शिगमोत्सव समितीचे वांगडी हाजीर आशिल्ले.

इतिहासिक, पैराणिक, सैम सामाळात असो संदेश दिवपी चित्ररथांनी ह्या मिरवणुकीत वाटो घएतिल्लो. हे शिवाय ढोल ताश्याचे पथक, तशेंच रोमटामेळानी , बायलांच्या दिंडी गटांनी शिगम्याची मिरवणुकीत रंग भरलो. हे शिवाय छत्रपती शिवाजी म्हाराज, शिगम्याचो कुळकार देव, विरभद्र, हनुमान, तशेंच हेर गणभेस सर्तीतल्या पात्रानी लोकांचे लक्ष ओडले .

गोंयचे दायज, संस्कृताय शिगमोत्सवातल्यान दिसता, गोंय सरकारा ह्या परंपरेक उर्बा दिता. शिगमो पळोवपाक गोंयसयत हेर राज्यातले लोक लेगीत व्हडा आकड्यान हजेरी लायताता, गांवगिऱ्या वाठारापासुन शारात लेगीत सध्या शिगमोत्सवाचो मुड पळोवपाक मेळटा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणले

मुंडकार खटल्यांचे सुनावणे खातीर शेनवारा काम करपी येणावळ खात्याच्या कर्मचाऱ्यांक सुटयेंच्या दिसा काम केल्ल्यान भरपाय सुटी (कॉम्प ऑफ) मेळटली. उत्तर गोंय जिल्होधिकारी कार्यालयान हे संबंदी आदेश जारी केला. शेनवारा दर दोन वरांनी बायोमेट्रीक मशीनांत पंचिंग करुन कर्मचाऱ्यांक आपली हाजिरी नोंद करची पडटली. हाचे उपरांत मामलेदारांची परवानगी आनी नेमा प्रमाण कॉम्प ऑफ मेळटली अशें आदेशांत स्पश्ट केलां. जिल्लोधिकारी कार्यालयाच्या पयल्या आदेशांत कॉम्प ऑफ दिवपाची न्हय संबंदीताचो भाग काडून उडोवपाची शिफारस मानवाधिकार आयोगान केल्ली. ते प्रमाण हो भाग वगळ्ळा. पूण कर्मचाऱ्यांक कॉम्प ऑफ मेळोवपा खातीर कांय अटी पाळच्यो पडटल्यो. शेनवारा कामाक येवपी कर्मचाऱ्यांक दर दोन वरांनी बायोमेट्रीक डिव्हायसाचेर पंचिंग करुन आपली हाजिरी नोंद करप गरजेचें आसा. मामलेदार वा संयुक्त मामलेदारांक हाची खात्री करची पडटली. हाचे उपरांतच पात्रताय आनी नेमा प्रमाण कॉम्प ऑफ दितले अशें आदेशांत म्हणलां.

मये मतदार संघातल्या हळदणवाडी मयेत जिल्हो पंचायत फंडाच्या अंतर्गत श्री लयराई जात्रा धोंडांच्या व्रताखातीर मंडप उभारपाचो बुनियादी फातर बसयलो . या सुवाळ्याक मुखेल सोयरें म्हुण मये मतदार संघाचे आमदार श्री प्रेमेंद्र शेट हजर आसले .त्यांच्या वांगडा मये जिल्हा पंचायत वांगडी शंकर चोडणकर, मये ग्रामपंचायतीचे सरपंच कृष्णा चोडणकर ,उपसरपंच वर्षा गडेकर आनि पंच वांगडी तशेच धोण हजर आशिल्ले. जिल्हा पंचायत फंडाच्या अंतर्गत हो मंडप उभारतले आनी हे वरवी गोंयची एक फामाद जात्रा आसलेली लयराई जात्रच्या धोणांची बरी व्यवस्था जातली अशे मत आमदार प्रेमेंद्र शेट हाणीं उक्तायलें .हे वेळार जिल्हा पंचायत वांगडी शंकर चोडणकर हाणी आपले उलोवंप केले .सरपंच कृष्णा चोडणकर हाणीं मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट यांच्या प्रयत्नात मंडपाचे काम पुराय जातकच देवीच्या धोणांची बरी व्यवस्था जातली अशे सांगतानाच या कामाचो पाठपुरावो करपाखातीर प्रयत्न करपी आमदाराचे ताणें उपकार मानले.

गोंय तीयात्र अकादमी आनि रवींद्र भवन साखळी यांच्या जोडपालवान फाल्यां 23 मार्चक साखळेच्या रविंद्र भवनात कोकणी गीतांची कार्यावळ जातली. गोंय तियात्र अकादमी आनि रवींद्र भवन साखळी हांच्या जोडपालवान जावपी ही कार्यावळ सांजे पाच वराचेर रवींद्र भवनाच्या मुखेल सभागृहात जातली. या सुवाळ्याक गोंय तियात्र अकादमीचे अध्यक्ष एंथोनी बारबोजा, साखळी रवींद्र भवन चे उपाध्यक्ष श्री दत्ताराम चिमुलकर आनि हेर मानेस्त हजर आसतले. हे कार्यावळींत कोकणी गीतां नामनेचे गायक सादर करतले.हे कार्यावळीक

संगीत रसिकांनी वडा संखेन हजर रावचे अशे आवाहन आयोजकांनी केला.

नमस्कार